

# दृश्य कला

## शिक्षका खातीर

- विद्यार्थ्यांक आरामांत बसून काम करपाक फावो ती सुवात उपलब्ध करून दिवप, फावो तो उजवाड आनी वेंटिलेशनाची खात्री करप.
- विद्यार्थ्यांचें काम दाखोवपाक आनी सांगपाक डिस्प्ले बोर्ड लायात, जे तांकां प्रेरणा दिवपा खातीर नेमान बदलूं येतात.
- विद्यार्थ्यांक स्वताचे विचार, कल्पना, भावना आनी कुतूहल उक्तावपाक प्रोत्साहन दिवप आनी तांची मौलिकता आनी निरागसताय तांच्या कार्यांत प्रतिबिंबीत जावपाक दिवप.
- विद्यार्थ्यांक वर्गांत तांच्या विचारांचो सोद घेवपाक, प्रयोग करपाक आनी चर्चा करपाक मेळपी कार्यावळींक प्राधान्य दिवप.
- काम केल्या उपरांत निवळ करप, वापरिल्लें साहित्य परत दवरप आनी कला साहित्याचेर जतनाय आनी आदरान उपचार करप आनी सांबाळप ह्यो सादयो संवयी लावच्यो.
- विद्यार्थ्यांक घरांत तांच्या कार्यावळींचेर चर्चा करपाक प्रोत्साहन दिवप आनी तांच्या पालकांक तांच्या कला आनी संस्कृतायेच्या शिकपांत आनी आचरणांत आस्पावन घेवप.




© NCERT not to be republished

# 1 कलेंतल्यो वस्तू


आमचे भोंवतणी वेगवेगळ्यां तरेच्यो वस्तू आमकां दिश्टी पडटात. आमी तांचो वापर सजावट, काम, शिक्षण, शाळा आनी घरांत दर दीसा करतात. ह्या वस्तूंचेर खाशेले नमुने आसात आनी त्यो वेगवेगळ्या साहित्यांतल्यान तयार केल्ल्यो आसतात.

0337CH01


















ह्या अध्यायाच्या शेवटाक पावता म्हणसर तुमकां चित्रां काडपाक, वस्तूंक रंग दिवपाक आनी मातयेचें काम करपाक शकतलें. हाका लागून तुमकां वेगवेगळ्या वस्तूंचे **आकार, रुपां, रंग** आनी साहित्य शिकपाक आनी ताची तोखणाय करपाक मेळटली.



## कृती 1 ओळीं वांगडा खेळ

स्क्रिबल करून तुमच्यो ओळी भोंवपाक दियात.

कांय ओळी बेगीन आनी कांय हळू हळू काडात.

- दाट आनी गडद रेशा करपाक थोडे दाबांत.
- पातळ आनी हलकी ओळीं खातीर हळुवारपणान काडात.

सकयल दिल्ल्या पध्दतीच्यों ओळी काडात-

व्हेव रेशा

झिगझॅग रेशा

बिंदू रेशा

डॅश्ड रेशा

उब्यो रेशा

आडव्यो रेशा

सकयल देंवपी रेशा

घुंवपी रेशा

© NCERT not to be republished

## कृती 2 आमच्या भोंवतणी मेळिल्ल्यो वस्तू काडप आनी रंग दियात

स्पर्श करून भोंवतणच्या कांय वस्तूंचेर नदर मारची. तांच्यो ओळी, आकार आनी रंग हांचे निरिक्षण करात.

वेगवेगळ्या आकारांच्यो खंयच्योय तीन वस्तू काडात आनी रंग भरात.



**चालू दवरांत: कागदाच्या तुकड्याचेर, फळ्याचेर वा रेखांकन पुस्तकांत चड रेखाचित्रां तयार करात.**

© NCERT not to be republished

तुमच्या घरांत मेळपी कांय वस्तू काडात आनी रंग भरात.

तुमच्या घरा भोंवतणी पळयात आनी वेगवेगळ्या आकारांच्यो आनी रुपांच्यो वस्तू

**सोदून काडटात.**

त्यो वापरतात ते आसूं येतात:

- रांदपाक
- कामकरपा
- अभ्यास
- न्हिदपाक
- खेळपाक

हातूंतली कांय चित्रां काडात आनी रंग भरात.

तुमच्या रेखाचित्रां बद्दल तुमच्या वर्गमित्रां सांगात.



© NCERT not to be republished

## कृती 3 ट्रस, कट आनी ओव्हरलॅप


पानां, ल्हान वस्तू आनी अमूर्त आकार अशे खंयचेय तीन वेगवेगळ्यां तरेच्यो वस्तू वापरून ही क्रिया करूं येता.

### प्रक्रिया 1


खंयच्योय तीन वस्तू वेंचात आनी ताचें चित्र काडात.



वस्तू 1




वस्तू 2



वस्तू 3

### प्रक्रिया 2

तुमच्या रेशाचित्रांचेर ट्रेसींग कागद घालात आनी तिगांयच्यो रुपरेशा वेगळेपणान काडात.




**शिक्षकाक टिपणी**

- ट्रेसिंगांत हाताची हालचाल आसता आनी पेन्सिल पकड तयार जाता.
- अतिव्यापी केल्ल्यान नवे आकार आनी रंग करपाक जावपाक मजत जाता.


### प्रक्रिया 3

तिनूय वस्तूंच्यो ट्रेसींग कापून घेयात



### प्रक्रिया 4


ड्रॉईंग पेपराचेर पयल्या कट-आऊटची रुपरेशा काडात.



© NCERT not to be republished


## प्रक्रिया 5

कांय ओव्हरलॅप घेवन दुसरो कट-आउट पयल्याचेर दवरात. .



## प्रक्रिया 6

तिसरो कट-आउट आदल्या कट-आउटाचेर दवरात, परतून कांय ओव्हरलॅप घेवन, ताची रुपरेखा काडात.
आतां ताची रुपरेशा काडात



## प्रक्रिया 7

आतां काडिल्ल्य ह्या तीन वेगवेगळ्यां आकाराक **तांबडो**, **हळदूवो** आनी **निळो** रंग करात.

तुमी उदकाचे रंग वापरूं येतात.

वाव ! अतिव्यापी जाग्याचेर तीन नवे रंग दिश्टी पडटले



## प्रक्रिया 8

तुमचें काम पुराय करात, आनी निवळ करात

© NCERT not to be republished

## कृती 4 बाटलेचें चित्र काडात आनी ताच्या आकारान खेळात

हांव एक बाटलीची गुड्डी.

तुमकां म्हजो आकार खबर आसतलोच.

हांवेन म्हजी बाटली साणयली.

तुमी म्हजे खातीर बाटली तयार करूंक शकता?

दिसपी बाटल्यां परस वेगळी करची.

वा म्हजी खंयची तीं म्हाका कळची ना!

तुवेन दोन केल्यार म्हज्या इश्टाकूय आनंद जातलो!

© NCERT not to be republished

## कृती 5 माती वांगडा खेळ

मातये वांगडा खेळपाक मजा येना?

वेगवेगळ्यो वस्तू आकार आनी रुपां मातयेपसून तयार करूं येता.

तुमच्या भोंवतणच्या वाठारांत आशिल्ल्या कांय वस्तूंचें मुळावें आकार काडप. तुमी तातूंत जादूची खाशेलपणां जोडूंक शकतात आनी तुमच्यो कल्पना सांगपाक शकतात.

मातयेन तीं तयार करपाक सुरवात करची. दांडो वापरून डिझायन, नमुने, ठिपके आनी



ओळी घालतात. तीं पुराय करून आपल्या वस्तूंक वेगवेगळीं नांवां दितात.

हात धुवन निवळ करपाक विसरूं नाकात.

तुमच्यो वस्तू तयार केल्या उपरांत तुमची सुवात!

**तुमकां खबर आसा?**

खास तयार केल्ल्या मातयेच्या मडक्याचो उपेग भारतीय संगीतांत वाद्य म्हूणय जाता. ताका एक घुमच अशें म्हणटात.

**चालू दवरप: थळाव्या संग्रहालयाक, हस्तकलेक भेट दिवप वा कुंभाराक. मातयेच्यो तरेकवार वस्तू मेळटात. तुमकां खरेंच आवडटा तें काडात! मजा येतली!**



## कृती 6 मडकी तयार करप

1. ह्या चित्रांनी खंयच्यो वस्तू दिश्टी पडटात?

   ______________________________

   ______________________________

2. मडक्यांचे वेगवेगळ्यो आकृती आनी आकार तुमी पळयल्ल्या?

   ______________________________

   ______________________________

3. दरेक चित्रांत लोक कितें करतात?

   ______________________________

   ______________________________



मडकी सजोवपाचो यत्न करात!